२६-०५-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

मुखेलमंत्री - १६०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी जे 2047 मेरेन जे विकसित भारताचे उद्दीश्ट दवरला ते गोंय धा वर्सां पयली पुराय करतलें. 2037मेरेन विकसित गोंयचे उद्दीश्ट पुराय जातलें, असो विस्वास मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला.

दिल्लीत संसद वाहिनीक दिल्ले मुलाखतीत तांणी हो विस्वास उक्तायलो. गोंय हे ल्हान राज्य आसा. दोन विमानतळ आसा. मुळाव्यो सुविधा नेटान तयार जायत आसा. हर घर जल, हर घर शौचालय, हर घर सडक ही उद्दीश्टा गोंयांन सगळ्यात पयली पुराय केल्या. हाका लागून विकसित गोंयचे उद्दीश्ट 2037 मेरेन पुराय करप सहज शक्य आसा, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. गोंय हे पर्यटन राज्य आसा. दर्यादेगो, चर्ची पळोवपाक संवसारातले पर्यटक येतात. आता देवळां तशेच वेलनेस पर्यटन सुरू जालां. हाका लागून गोंय हे देशातले पर्यटनातले रायपाटण जातलें, असो विस्वास तांणी उक्तायलो. स्वयंपूर्ण गोंय मोहीम येसस्वी करून गोंयांक स्वयंपूर्ण गोंय करपाचे सपन आसा. हांव मुखेलमंत्री जालो तेन्ना कोरोनाचो काळ आशिल्लो. कोरोना म्हामारीक येसस्वीपणान फुडो करताना खण

वेवसाय सुरू करपाचे आव्हान आशिल्ले. कोरोना उपरांत स्वयंपूर्ण गोंय मोहीम सुरू केली. तशेच खणी सुरू करपाच्या येत्नाक यश आयलां.

**राष्ट्रीय शिक्षण धोरण**

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण माध्यमीक शिक्षकां खातीर 'तांक वाडोवपी प्रशिक्षण ' कार्यावळी खाला गोंय शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन माध्यमीक शाळांतल्या इंग्लीश भास शिक्षकां खातीर प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडल्या. भोपाळच्या प्रादेशिक शिक्षण मंडळाच्या आदारान ही प्रशिक्षण कार्यशाळा आभासी पद्धतीन जातली. हांतूत दोन अभ्यासक्रम आसात. तांतूतलो पयलो - इंग्लीश भास शिकोवपाचें प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम स म्हयन्यांचो आसून तो जुलय २०२५ ते डिसेंबर २०२५ मेरेन चलतलो. दूसरो - इंग्लीश शिक्षण डिप्लोमा अभ्यासक्रम एक वर्साचो आसून तो जुलय २०२५ ते जून २०२६ मेरेन चलतलो.ह्या प्रशिक्षणांत रूची आशिल्ल्या शिक्षकांनी गोवा राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळ, पर्वरी कडेन बेगोबेग संपर्क सादचो अशें मंडळाचे संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी मांगला.

**मन की बात**

संवसारभरांतल्या आतंकवादाआड झुजपाक ऑपरेशन सिंदूरांतल्यान नवो आत्मविस्वास आनी उमेद मेळ्ळया अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक मार्गदर्शन करतना

प्रधानमंत्री मोदी हांणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार सशस्त्र दळांनी दाखयल्ल्या शौर्याची तोखणाय केली. ऑपरेशन सिंदूर ही फकत लश्करी मोहिम न्हय, तर राष्ट्राच्या संकल्पाचें आनी धैराचें चित्र, आसा अशें प्रधानमंत्री म्हळे. हाका लागून पुराय देशांत देशभक्तीची भावना निर्माण जाल्या, अशें तांणी सांगलें. देशांतल्या जायत्या व्हड तशेच ल्हान शारांनी, गांवांनी, देशांतल्या सशस्त्र दळाक मान दिवपा खातीर हजारांनी लोक तिरंग हातांत घेवन तिरंगा यात्रा घडोवन भायर सरले.. ह्या काळांत जल्मल्ल्या भुरग्यांक बिहारांतल्या कटिहारांत, उत्तर प्रदेशांतल्या कुशीनगरांत आनी हेर जायत्या शारांनी 'सिंदूर' अशें नांव दिलां हाचीय ताणें दखल घेतली.

भारतीय सैनिकांनी, भारतांत तयार केल्ल्या शस्त्रां, उपकरणां आनी तंत्रगिन्यानावरवी आतंकवादी तळ तशेच लॉचपेडा नश्ट केली अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. हातूंत 'आत्मनिर्भर भारत' चो संकल्पय आस्पावता अशेंय तांणी हेवेळार सांगलें.

**मॉॅन्सून गोंयांत**

2009 उपरांत पयलेच खेपे नियोजित तारखेपयली गोंयांत मान्सून पावला. हवामान खात्याकडल्यान ही माहिती मेळ्ळी. वर्सावळीप्रमाण मॉन्सून 5 ते 9 जून

मेरेन पावता. अंदू केरळांत तो बेगीन पाविल्ल्यान गोंयातूय तो बेगीन पावला. चार-पांच दिसां सावन गोंयांत सेगीत पावस झडत आसा. ह्या पावसाक लागून जायते कडेन पडझडूय जाली. फुडले तीन दिस हवामान खात्यान ऑरेंज एलर्ट जारी केला. हाका लागून पावसाचो नेट सेगीत उरतलो. . पावसाचें उदक रस्त्यावेल्यान व्हावपाक लागलां. रस्त्यांचेर, तशेच बाजारांनी उदका भरला. तशेंच फुडले चर दीस वादळ, वाऱ्या सयत घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आयपीएल - १४०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात सनरायझर्स हैद्राबाद पंगडान कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाक ११० धावंड्यानी हारयले. दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात हो खेळ जालो. सनरायझर्स हैदराबाद पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली फलंदाजी करताना निर्धारित २० षटकांत ३ बाद २७८ धावंड्यो केल्यो. हेनरिक क्लासेनान शेकडो मारताना नाबाद १०५ धावंड्यो केल्यो तर ट्रॅव्हिस हेड हांणे ७६ धावंड्यो केल्यो.

सनरायझर्स हैदराबाद पंगडान दिल्ल्या २७९ धावंड्यांच्या आव्हानाक जाप दिताना, कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाचो डाव निर्धारित वीस षटकांत १६८ धावंड्यात सोपलो. सनरायझर्स हैदराबादच्या जयदेव उनाडकट, इशान मलिंगा आनी हर्ष दुबे हांणी दरेकी तीन गडे बाद केले.

तेआधी जाल्ल्या आनीक एका खेळात चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक ८३ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान निर्धारित २० षटकांत ५ बाद २३० धावंड्यो केल्ल्यो. उपरांत, गुजरात टायटन्सचो डाव १८.३ षटकांत १४७ धावंड्यात सोपलो.

आयज जयपूरातल्या सवाई मानसिंग स्टेडियमात पंजाब किंग्ज पंगड मुंबई इंडियन्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरू जातलो.